Panaji National

22 June 2026 6:30 pm

## Brics

ब्रिक्स राष्ट्रीय सुरक्षा सल्लागारांची बसका सध्या नवी दिल्लींत चालू आसा. भारताचे राश्ट्रीय सुरक्षा सल्लागार अजीत दोवाल हे दोन दिसांचे बसकेचे अध्यक्षपद सामाळटले , जातूंत ह्या गटाच्या 11 वांगडी राश्ट्रांतले सुरक्षा मुखेली वांटो घेतले. हातूत भारत, ब्राझील, चीन, इजिप्त, इथिओपिया, इंडोनेशिया, इराण, रशिया, साउदी अरेबिया, दक्षिण आफ्रिका, संयुक्त अरब अमीरात (UAE) ह्या देशांचो आस्पाव जाता.

'आयज संवसारामुखार आशिल्लीं बिगर पारंपारीक सुरक्षा आव्हानां' ह्या विशयाचेर हे बसकेंत भर दितले. राष्ट्रीय सुरक्षा धोक्यांचे नेटान विकसीत जावपी स्वरूप आनी उदयाक येवपी सुरक्षा धोक्यांत नव्या तंत्रगिन्यानाची भुमिका हांचेर चर्चा जातली. तशेंच सायबर सुरक्षा, डिजिटल डोमेनांतली असुरक्षीतताय, आनी एआय म्हळयार कृत्रिम बुद्धिमत्तेकडल्यान जावपी धोक्यासंबंदीत प्रस्नांचोय नियाळ घेतले.

## नितीन नबीन

भाजपाचे राष्ट्रीय अध्यक्ष नितीन नबीन हांणी आयज लुधियाना हांगा नामनेचे शेतकी शास्त्रज्ञ आनी पद्मभूषण पुरस्कार फावो जाल्ले सरदार सिंग जोहल हांकां मेळून पंजाबांतल्या शेतकी संकश्टा विशीं चर्चा केली. की शेतकी मळार उपाट योगदान दिवपी व्यक्तीमत्वा कडेन संवाद सादप हें एक सौभाग्य. सरदार सिंग जोहल हांचे कडेन संवाद सादतना शेतकी प्रस्नांचेर मोलादीक म्हायती मेळ्ळी अशें हे बसके उपरांत नबीन हांणी सांगलें.

## राजनाथ सिंग

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग हांणी आयज नवी दिल्लींत इझ्राएल संरक्षण मंत्रालयाचे महासंचालक निवृत्त मेजर जनरल अमीर बरम हांची भेट घेतली. भारत-इझ्राएल खाशेल्या रणनिती भागीदारीखालाभारत-इझ्राएल संरक्षण मळावेल्या सहकार्याचो विस्तार करपा खातीर इझ्राएलाच्या वचनबद्धते विशीं बरम हाणी मंत्री राजनाथ सिंग ह्यांचे कडेन उलप केल्याचे सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत संरक्षण मंत्रालयान सांगलां.

## Kavach

सुरक्षीतताय आनी कार्यक्षमताय वाडोवपा खातीर भारतीय रेल्वेन उदेंत दर्यादिगेच्या रेल्वेमार्गाच्या 631 किलो मीटराच्या रेल्वे मार्ग वाठारांत 'कवच' ही स्वयंचलीत रेल्वे संरक्षण प्रणाली-स्थापन करपाक मान्यताय दिल्या.ह्या प्रकल्पांत उदेंत दर्यादिगेवेल्या रेल्वेच्या स मुखेल विभागांचो आस्पाव जाता ह्या मार्गांचेर 'कवच' पद्दत स्थापन केल्यार आपोआप रेल्वे संरक्षण आनी अपघात टाळपाची क्षमताय मेळटली, ह्या प्रकल्पाक लागून ओडिशा आनी ईस्ट कोस्ट रेल्वेन सेवा दिवपी लागसारच्या वाठारांनी प्रवासी आनी मालवाहतूक ह्या दोनूय गाडयांच्या संचालनाक फायदो जातलो अशें मंत्रालयान नदरेक हाडलां.

**पद्म**

पोखिला लेकथेपी ही आसामी गायिका चार दसकां परस चड काळासावन कार्बी संगीत क्षेत्रात कार्यरत आसात. ३०० चड पदां गायिल्या ह्या गायिकेक अंदु वर्साचो देशाचो सर्वोच्च नागरी भौमान पदमश्री फाव जाला

**खेळ**

बेंगळुरूंत फाल्यां सावन फुडल्या म्हयन्याच्या तिसऱ्या दिसा मेरेन वायुसेना अर्जन सिंग मेमोरियल हॉकी सर्त 2026 ची सातवी आवृत्ती वायुसेना स्टेशन जळाहळ्ळी  हांगाच्या एअर मार्शल अमित सिंग बक्षी हॉकी स्टेडियमांत जातली.  भारताच्या  क्रिकेट नियामक मंडळान 14 जुलयाक सुरू जावपी इंग्लंड भोंवडे खातीर भारताचो  15 वांगड्यांचो  वनडे पंगड जाहीर केला. शुबमन गिलाच्या फुडारपणा खाला विराट कोहली आनी जसप्रीत बुमराह सारकिल्ल्या वरिश्ठ खेळगड्याचो हातुंत आसपाव आसा.  फिफा 2026 विश्वचषकांत इजिप्तान आयज न्यूझीलंडाचेर जैत मेळयलें.

**हवामान**

भारतीय हवामान खात्यान आयज आसाम आनी मेघालयांत व्हड प्रमाणात पावस पडपाची शक्यताय उक्तावन रेड अलर्ट जारी केला. भारतीय हवामान खात्याच्या अदमासाप्रमाण फाल्यां मेरेन बिहार, ओडिशा, आंध्र प्रदेश, कर्नाटक, केरळ, माहे, कोंकण, गोंय आनी लक्षद्वीपाचेर व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची शक्यताय आसा. मजगतीं, फुडले तीन दीस विदर्भात खर उश्णताय पातळपाची शक्यताय आसा. फुडें छत्तीसगड, उदेंत मध्य प्रदेश, उदेंत उत्तर प्रदेश आनी तेलंगणा हांगा फाल्यां मेरेन उश्णतायेची ल्हार येवपाची शक्यताय भारतीय हवामान खात्यान उक्तायल्या.